भारतरत्न

मोरारजी देसाई

प्रकाश थळी

मोरारजी देसाई

प्रकाश थळी

मोरारजी देसाई

लेखक : प्रकाश गं. थळी
उजरो, राय, सालसेत - गोंय.

प्रकाशन क्रमांक : 164

1996

© **प्रकाशक :** प्रभाकर द. भिडे
राजहंस वितरण, 1-मीनाक्षी बिल्डिंग,
डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी - 403 001

छपाई : राजहंस ऑफसॅट, पणजी.

मुखपृष्ठ आनी सजावट : दीपक पेडणेकार

मोल :
1996 --- 30 रुपया
1997 --- 30 रुपया
1998 --- 33 रुपया

ISBN 81-85854-62-9

मोरारजी देसाई



जल्म आनी भुरगेपण.

मोरारजीभाईचो जल्म गुजरात राज्यांतल्या बलसाड जिल्ल्यांत भडेली गांवांत 29 फेब्रेर 1896 त जालो. त्या काळार तो वाठार वडल्या सुरत जिल्ल्यांत मोडटालो. त्या वाठारांत अनवली ब्राह्मण नांवाची एक जात आसली. आतां हे जातींतले लोक हेरकडेनूय पातळ्ळ्यात. अनवली ब्राह्मण जातींतले लोक सडेतोड, फटकळ उलोवपाखातीर नामना जोडून आसात. ते मातशे गरम तकलेचे आनी स्वतंत्र विचारांचे. तातूंतल्या जायत्या जाणांनी पेशव्यांच्या काळांत देसाई म्हणून काम केलें आनी पेशव्यांकडल्यान वतना सवलती बी मेळयल्यो. अशे तरेन तांचें देसाई हें आडनांव पडलें.

त्या काळार बाळंटेरा वेळार बायलो आपणाल्या कुळारा वताल्यो.

तेच प्रथेप्रमाण मोरारजीचो जल्म ताच्या आजोळा जालो. ताच्या आज्याचें मुखेल काम आसलें शेती-बागायतीचें. तो मध्यम वर्गांतलो, सुमाराचीच येणावळ आशिल्लो मनीस. ताचें नांव गोपाळजी वासनजी देसाई. तो फटकळ आनी सडेतोड उलोवपी म्हणून लोक ताका वळखताले. एक फावट दुसऱ्याक दिल्लें उतर ताणें केन्ना मोडलेंना. ताचें घर खूब व्हडलें आनी कुटुंबूय व्हडलें. अशा त्या घराब्यांत मोरारजीभाईंचें भुरगेपण गेलें.

मोरारजीभाईचो बापूय एक शिक्षक आशिल्लो. तो सौराष्ट्रांतल्या भावनगर राज्यांत एके शाळेंत शिकयतालो. केन्ना केन्ना मोरारजी ताचेसरीं भावनगरांत वा कंडलांत वचून रावतालो. ताका लागून मोरारजी शाळा बदलीत आसतालो. तरीय ताच्या अभ्यासाचेर वा शिक्षणाचेर ताचो व्हडलोसो कांय परिणाम जालोना.

पिरायेच्या पांचव्या वर्सा मोरारजीभाईचें मुळावें शिकप सुरू जालें. ताका गुजराती भास शिकोवपी शिक्षक खूब मायेस्त आशिल्लो. भुरगेपणांत ताचो एक मामाच ताचो चड लागींचो इश्ट आनी सांगाती आशिल्लो. तो मोरारजीभाईपरस आंगापांगान घटमूट आशिल्लो. दोगांयमदीं झगडीं जातालीं. तेन्ना मोरारजीचेरूच हार पडटाली. त्या काळार मोरारजी खूब भिवकुटो आसलो आनी कोणाकडेन झगडपाक ताका काळीज जायनाशिल्लें. कोणें तिडायलो जाल्यार तो मोन्यांनी सोंसतालो. पूण गांवांतल्या खेळांनी मात तो सदांच पयल्या पांवड्यार आसतालो आनी सगल्या वांगड्यांक अभिमानाचो आनी जायजायसो दिसतालो.

मुळावी, दुसरी, तिसरी आनी चवथी यत्ता ताणें बापाय म्हन्यांत

शिकून काडल्यो. मोरारजीचो बापूय त्या वेळार कंडलांत इंग्लीश मिडल स्कुलाचो हेडमास्टर आशिल्लो. त्या काळावयलो एक प्रसंग मोरारजीभाईच्याच उतरांनी-

'हांव शाळेंतल्यान उसरां घरा आयिल्लों. म्हाका घरा हाडपाक ज्या गड्याक धाडिल्लो तोच पयलीं शाळेंत उसरां पावलो. देखून तितलो वेळ हांव मुख्याध्यापकागेर उरलों. गड्यान शाळेंत वचून पळयलें तेन्ना हांव ताका सदांचे सुवातेर दिसलोंना. ताणें वासपूस बी कांयच केलिना आनी तो तसोच घरा परतलो. आपूण शाळेंत उसरां गेलां म्हणपाचें ताका लिपोवपाचें आशिल्लें म्हणून ताणें म्हज्या बापायक फट मारली. ताणें सांगलें, मोरारजी बेगिनूच इश्कोलांतल्यान भायर सरून खंय तरी हेडपाक गेलो आनी मेळ्ळोना. म्हज्या गड्याची वाट पळोवन मागीर प्रिन्सिपलान आपणाल्या घरच्या गड्याचो वांगड दिवन म्हाका घरा धाडलो. गड्याच्या उतरांचेर पातयेवन बापायन म्हाका बरोच बडयलो. दुखीन म्हाका जोर आयलो आनी दुसऱ्या दिसा शाळेंत वचूंक जालेंना. देखून प्रिन्सिपल म्हजे खबरेक आमगेर आयलो. म्हज्या बापायन आदल्या दिसा म्हज्या उसरां घरा पावपा संबंदीं तांकां सांगलें. हाचेर प्रिन्सिपलान म्हज्या बापायक खरेली गजाल सांगली. म्हज्या बापायक मागीर खूब वायट दिसलें. तो कडक शिस्तीचो आशिल्लो आनी म्हाका ताणें ख्यास्त केल्ली ती रितीक लागुनूच. देखुनूच म्हाका ताचो राग आयलोना आनी हांवें तें जिवाक लावन घेतलेंना.'

घराबो आनी घरचीं :

इंग्लीशीचे चवथे क्लासींत आसतना मोरारजी पयले स म्हयने कांडलांत शिकलो. फुडले समाहीक बलसाडाक गेलो आनी ताणें बाई

आवाबाई हायस्कुलांत' नांव घालें. नवे शाळेंतलो अभ्यासक्रम खूब वेगळे तरेचो आनी इतिहास इंग्लीशींत शिकचो पडटालो. हाका लागून मोरारजीक खूब त्रास पडले. पूण ताचे शिक्षक खूब बरे आशिल्ले आनी मोरारजीनूय मन लावन अभ्यास करून परीक्षा पास जावन [illegible]यलें उपरांत मॅट्रिकमेरेन तो थंयच शिकलो.

बलसाडाक मोरारजीभाईल्या बापायलें घर आशिल्लें पूण ताचो बापूय भावनगराक नोकरेक आशिल्ल्यान घर धांपून आसतालें. तेखातीर मोरारजी भडेलींत रावतालो आनी सद्दां बलसाडाक शाळेंत वतालो. मदीं औरंगा न्हंय बालांडची पडटाली. दर्या लागींच आशिल्ल्यान न्हंयेक सुकती-भरती आसताली. भरते वेळार व्हड्यान जाल्यार सुकतेर केन्ना धोंपरभर उदकांतल्यान चलत वचचें पडटालें. सद्दां तीन मैल चलचें पडटालें. तेभायर घरचीं गोरवां-वासरांचीं, शेतां-भाटांचीं बी कामांय करचीं पडटालीं. जिवाक पुरो जातालें. पावसाळ्यांत एका हातान सत्री सांबाळप, कपड्यांचेर चिखल पडूंक दिवप ना, मुस्तायकी भिजूंक दिवप ना अशे तरेन शाळेंत वचप-येवप म्हणल्यार कठीण काम आसलें.

पिरायेच्या 16 व्या वर्सा मोरारजीभाई मॅट्रीक पास जालो. मॅट्रिकेच्या वर्गांत ताका दोन वर्सां काडचीं पडलीं कारण त्या काळार पिरायेचीं 16 वर्सां जालेबगर मॅट्रिकेक बसून मेळनाशिल्लें. मॅट्रिकेच्या पयल्या वर्सा ताका फकत पंदरा वर्सां पुराय जाल्लीं. त्याच वेळार ताचो बापूय भायर पडलो.

त्या काळावयले प्रथेप्रमाण मोरारजीभाईचें लग्न त्याच दिसांनी आवयबापायन थरयल्लें. खेदाची गजाल म्हणल्यार लग्नाच्या दोन दिसांपयलींच बापूय मेला आसतनाय दिल्लें उतर मोडचें न्हय म्हणून

ताच्या आवय वटेनच्या आज्यान आदीं थरयल्लेप्रमाण मोरारजीक लग्न केलो.

मोरारजीभाईच्या बापायच्या अचकीत मरणाक लागून सगलेंच कुटूंब त्रासांत पडलें. मोरारजीभाईचे आवयंचें नांव वजियाबेन. तिका मणिबेनूय म्हणटाले. मोरारजी तिका बा म्हणटालो. ती गुणेस्त बायल आशिल्ली. मोरारजीभाईच्या बापायभाशेन तिच्यांतूय कांय बरे गूण आशिल्ले. घोवाचे मर्यादीत जोडीभितर ती सगलो संवसार जाता ते परीन चलयताली. ती मातशी रागीट, पूण तिची तिडक केन्नाय कोण चुकीचे तरेन वागलो जाल्यारूच दिश्टी पडटाली. ना जाल्यार ती शांत सभावाची अशेंच म्हणूंक जाय. बापायच्या मरणा उपरांत मोरारजीभाई, ताची आवय आनी सगलीं भुरगीं आपणाल्या आजोळा रावपाक लागलीं.

एक दीस मोरारजीभाईची आजी (आवयची आवय) हिचेवांगडा आवयचें झगडें जालें आनी हें सगलें कुटूंब घेवन मणिबेन आपणाल्या घोवाच्या घरा बलसाडा रावपाक आयली. बा एक स्वाभिमानी बायल आशिल्ली. त्या वेळार मोरारजी कॉलेजींत शिकतालो. भावनगर संस्थानाकडल्यान ताका म्हयन्याक धा रुपया स्कॉलरशीप मेळटाली. तेभायर तो शिकवण्यो करतालो. ही इतलीय जोड तो घरा आवयक धाडटालो आनी तितले भितर ती संवसाराचो सगलो खर्च भागयताली. ताचो आजो (आवयचो बापूय) थोडीभोव मदत अदींमदीं धाडटालो.

बापूय मेला तेन्ना मोरारजी फकत पंदरा वर्सांचो आशिल्लो. पूण संवसाराची सगली जापसालदारकी ताचेर येवन पड़िल्ली, कारण तोच सगल्या भुरग्यांभितर व्हडलो. मोरारजीचें तेन्नाचें कुटूंब म्हणजे आजी (बापायची आवय), बा, तीग जाण भाव, दोन भयणी आनी मोरारजीची

घरकात्र. अशो तरेन सगलीं मेळून णव मनशां. ताची सगल्यांत धाकली भयण बापायच्या मरणाउपरांत पांच-स म्हयन्यांनी जल्माक आयिल्ली. बापायन वतना फाटल्यान एक ल्हानशें घर आनी चार बिघे जमीन इतलीच 'इस्टेट' दवरिल्ली. जमनींतल्यान वर्साक धा रुपया इतली येणावळ येताली तीय वेळार न्हय. पूण आजोळचो आदार आशिल्लो म्हणून कशें तरी चलतालें म्हणपाचें.

मोरारजीभाईक दोन मामा आसले. व्हडलो हरीभाई. तो ताचो सावत्र-मामा आनी पिरायेन तांच्या बापायइतलोच. तो आनी मोरारजीचो बापूय शाळेंत वांगडा शिकताले. हरीभाई शिकपाक खूब हुशार आशिल्लो आनी पदवी मेळोवन ताणें महसूल खात्यांत सरकारी चाकरीय मेळयल्ली. कांय वर्सांभितर तो मामलेतदाराच्या हुद्द्याचेर पाविल्लो. मामलेतदार म्हणून ताची कामगिरी एकदम बरी आशिल्ली पूण ताच्या मनमेकळया आनी स्पश्ट उलोवपाक लागून ताच्या वरिश्टांकडेन ताचे अदींमदीं तंटे उपरासताले.

1911 त हरीभाईआड वरिश्टांनी कसली तरी चवकशी करपाच्या निमतान ताका निलंबीत केल्लो. खूब व्हडली चवकशी केलेउपरांत ताका म्हयन्याक पन्नास रुपया निवृत्ती वेतन घेवन बळयां रिटायर जावचें पडिल्लें. ताका दोन चले आनी चार चलयो. तीं सगलीं मोरारजीची खूब अपुरबाय करतालीं. हो मामा भडेलीक मोरारजीसरीं रावपाक आयलो. तेन्नाच्यान ताका मोरारजीची खूब ओड लागली. तो मोरारजीक लक्तुबायेन 'देव' म्हणटालो. तो पिरायेच्या 97 व्या वर्सा भायर पडलो. मोरारजीचो दुसरो मामा निच्छाभाय मोरारजीपरस फकत स म्हयन्यांनी व्हडलो. ते दोगूय भुरगेपणासावन सांगातान वाडले देखून सदांच इश्ट कशे चलताले. तो अभ्यासान फाटीं आसलो. ताणें चवथेउपरांतूच शाळा

सोडिल्ली.

1905 त बंगालचे फाळणेच्या निमतान व्हडलें आंदोलन चलतालें. मोरारजीची पिराय तेन्ना धा वर्सांची. पूण देसभर आंदोलन पातळिल्लें आनी ताचो प्रभाव भुरग्यांचेरूय पडिल्लो. त्या निमतान मोरारजीभाईन च्या सोडली. चार वर्सांउपरांत लोकमान्य टिळकाक धरून बंदखणींत घालले तेन्ना शाळेंत हरताळ जावन शाळा बंद उडयल्ली. थंय एक सभा जाली आनी मोरारजीभाईन स्वदेशीचो सोपूत घेतलो. भुरगेपणासावनूच अन्यायाचो आनी फटींगपणाचो मोरारजीभाईक तिटकारो आशिल्लो.

भुरगेपणासावनूच मोरारजीभाई वायट चलणुकेच्या भुरग्यांपासून खूब पयस रावतालो. ताका लागून ताका चड इश्ट नाशिल्ले पूण जे कोण आशिल्ले ते मात खऱ्यांनीच बऱ्यांतले अशे. 1911 त पांचव्या जॉर्ज राजाचो राज्यरोहण सुवाळो जालो. त्या निमतान मोरारजीभाई मुंबय पावलो आनी आठेक दीस थंय उरलो. उपरांत तो भडेलीक परतलो.

1912 त मोरारजीभाई अहमदाबादेक गेलो. तो दीस आश्विन चतुर्दशीचो, हो दीस बरो न्हय अशें मानतात. पूण ताका असल्या गजालींचो केन्नाच फुडें लेगीत पातसो दिसलोना. तेपयलीं मोरारजीभाई 1905 त अहमदाबादेक पयलेच फावट पाविल्लो. त्या वेळार ताचो मामा हरीभाई गोपालजी देसाई हो थंय मामलेतदार आशिल्लो. तागेरूच मोरारजीभाई त्या वेळार राविल्लो.

दुसरे फावट अहमदाबादेक मोरारजी श्री. आंबेलाल जोगीभाई देसाई ह्या सोयऱ्यागेर पंदरा दीस उरलो. मोरारजीभाई मॅट्रिकेची परीक्षा बऱ्या मार्कांनी पास जालो आनी सगल्या भुरग्यांमदीं पंचेचाळिसावो नंबर ताणें मेळयलो.

जानेवारी 1913 त कॉलेज शिक्षणाखातीर मोरारजीभाई मुंबय आयलो.

तेन्ना ताची अर्थीक स्थिती सामकीच दुबळी आशिल्ली. तो घरांतलो सगल्यांत व्हडलो भुरगो, बापायच्या अचकीत मरणाउपरांत घराब्याची जापसालदारकी ताचेर आशिल्ली. येणावळ साप उणी. मामाकडल्यान आदार जातालो, थोडी स्कॉलरशीप मेळटाली आनी तो स्वता शिकवण्यो करून घरा थोडे पयशे धाडी, नशिबानसार गोकुळदास तेजपाल विश्र्वामधामांत ताका रावपाक, जेवपाक, कॉलेजाची फी आनी पुस्तकां फुकट मेळटालीं.

विल्सन कॉलेजींत मोरारजीभाई शिकतालो. मदल्या वर्गांतल्या शिकपी भुरग्यांखातीर ती कॉलेज तेन्ना फावोशी अशें मानताले. फी माफक आशिल्ली, कांय सवलतीय गरीब विद्यार्थ्यांक मेळटाल्यो. चडशे भुरगे मुंबयचे एल्फिन्स्टन कॉलेजींत वताले. पूण ती मात गिरगांवासावन पयस आशिल्ली.

गोकुळदास तेजपाल वसतिगृहांत मोरारजीभाई साडेचार वर्सां उरलो. ते संस्थेन ताचें व्यक्तिमत्व घडोवपांत खूब योगदान दिलें. आस्कळविस्कळ सुवात, टॅनीस कोर्ट, जिमखाना आनी तेभायर क्रिकेटीचें मैदान ह्यो सुविधा थंय आशिल्ल्यो. एके कुडींत णव भुरगे रावताले. स्वावलंबनान सांगात्यांवांगडा सहकारान जियेवपाची कला तो थंयच शिकलो. अशो ते सुवातेर खूब थोड्या नशीबवंतांक रावून शिकपाची संद मेळटाली.

थोड्याच दिसांभितर मोरारजीभाईची शरिरीक आनी बुध्दीक वाड नेटान जावंक लागली. त्या बोर्डिंगांत ताचें जिवीत मजेंत गेलें. बऱ्या

बऱ्या गुणवान आनी हुशार भुरग्यांचो सांगात ताका थंय मेळ्ळो. तातूंतले कांय जाण देसभर नामना जोडूंक पावले. देखीक : एच एम त्रिवेदी, प्रोफेसर वेलणकर, जस्टीस भगवती, सी एन वकील, सी एम पटेल, एम बी अमीन आदी.

मॅट्रीक जायमेरेन मोरारजीभाई सदांच वर्गांतलो सगल्यांत मोटवो भुरगो आसलो. तेभायर सामको भिवकुटो. पूण कॉलेजांत पावले उपरांत ताची उंचाय वाडली आनी कुडूय घटमूट आनी जाडजूड जाली. जिमखान्यांतलो व्यायाम आनी नेमान टॅनीस खेळपाचो हो परिणाम आशिल्लो. तेभायर निसर्गोपचाराचेरूय त्याच काळांत ताची श्रध्दा जडली जी निमाणे मेरेन तशीच उरिल्ली. बेर्नार्द मॅकफॅडनच्या 'फिझिकल कल्चरल ह्या विश्वकोशांचोय ताचेर खोल परिणाम जालो जो फायद्याचो थरलो.

भौतीकशास्त्र आनी पदार्थविज्ञान हे इत्सीक विशय घेवन मोरारजीभाई बी ए पास जालो. कॉलेजींत आसतना तो एक हुशार विद्यार्थी म्हणून गाजतालो आनी प्रिन्सिपल तशेंच प्रोपसोर ताका अपुरबायेन वागयताले.

'होम रूल मुवमॅंट' निकतोच सुरू जाल्लो. त्या निमतान जावपी सभांक मोरारजीभाई नेमान वतालो. श्रीमती ॲनी बेसंट हिजीं उलोवपां ताका खूब मानवतालीं. तिची भास आनी मंजूळ आवाजांतली धाटणी मनाचेर जादू करतालीं. 1915 त इंटराची परीक्षा पास जातकूच मुंबय राष्ट्रीय काँग्रेसीचें अधिवेशन जालें. सत्येंद्र प्रसन्ना सिन्धु अध्यक्ष आसलो. मोरारजीभाईन तातूंत आपवावुरपी ह्या नात्यान वांटो घेतलो. थंयच ताणें महात्मा गांधीचें उलोवप पयले फावट आयकलें. तांच्या व्यक्तिमत्वाचो ताचेर खोल प्रभाव पडलो.

एक फावट त्या अधिवेशनांत अशें जालें: वांगड्यांच्या मंडपांत बंगाल आनी उत्तर प्रदेशांतले कांय तरणाटे महात्मा गांधीकडेन वाद घालताले. ते म्हणटाले, गांधीजीचो अहिंसावाद आनी सत्याग्रह ही सामकीं मिळमिळीत धोरणां आनी मोव शस्त्रां. तांच्या आदारान भारताक केन्नाच स्वराज्य मेळपाचें ना. गांधीजी तांकां थंड तकलेन समजावपाचो यत्न करतालो. कांय वर्सां आफ्रिकेंत रावून ह्याच मार्गान झुजून बरेंचशें जैत जोडून तो मायदेसाक परतल्लो. पूण हांगां तो अजून नामनेक पावूंक नाशिल्लो आनी 'महात्मा' य जावंक नाशिल्लो. ताची खरेली वळख जनतेक जावपाची आशिल्ली. अखेरेक आपणाल्या मनाचो तोल हालूंक दिनासतना गांधीजीन तांकां सांगलें,

'तुमचें घडये खरें' आसत. पूण आनीक 25-30 वर्सांनी ह्याच मार्गान भारताक स्वराज्य मेळिल्लें तुमीच पळयतले.'

गांधीजीची भविश्यवाणी सामकी खरी थरली हें आनीक वेगळें सांगपाची गरज ना. त्याच अधिवेशनांत मोरारजीक सुरेंद्रनाथ बेनर्जी आनी फिरोझशाह मेहता हांचीं भाशणां पयले फावट आयकूंक मेळ्ळीं. तांच्या व्यक्तिमत्वाचो आनी तांच्या वक्तृत्वाचो मोरारजीभाईचेर खूब प्रभाव पडलो. खासा करून फिरोझशहा मेहता ही एक म्हान व्यक्ती आशिल्ली, मुंबयंत आनी हेरकडेन ताका खूब मान आशिल्लो.

कॉलेजीच्या काळांत मोरारजीभाई सिनेमा वा नाटकांक आपूण जावन चडसो वचनासलो. कोण इश्टान कोमार काडलो जाल्यारूच वचप, तोवूय बी एकटुक्यान न्हय, पूण ताका क्रिकेट मॅची पळोवपाचें मात खूब पिशें आशिल्लें. वेळांत वेळ काडून तो शारांत खंयूय मॅच आसल्यार मुद्दम पळोवंक वतालो. ह्या कामाक खर्च येनाशिल्लो. कारण चडसो प्रवास चलुनूच जातालो.

अहमदाबादेंत डॅप्युटी कलॅक्टर

पयलें संवसारीक झूज चालू आसतना, इंडियन सिवील सर्वीस (आय सी एस) ची परिक्षा घेवप सरकाराक जमनाशिल्लें. देखून 1917 ते 1919 ह्या काळांत कांय लोकांच्यो परीक्षेबगर सरळ नेमणुको जाल्यो. मोरारजीभाईच्यानूय हे संदीचो लाव घेवं येतालो, पूण ताच्या मनाक तें पटलेंना. कारण परिक्षेखातीर इंग्लंडाक वचप गरजेचें आसतालें आनी ताच्या कुटुंबाची परिस्थिती व्हडलीशी बरी नाशिल्ली. दोन वर्सां घरच्यांपासून पयस रावप समा नाशिल्लें. इतले मजगतीं ताका तत्पुरतो डॅप्युटी कलॅक्टर म्हणून प्रांतीक सिवील सर्विसेंत नेमलो आनी माय 1918 च्या तिसऱ्या सप्तकांत ह्या हुद्द्यार तो अहमदाबादेक कामार रुजू जालो. पयलीं दोन वर्सां ताका प्रोबेशनाचेर दवरिल्लो. स स म्हयन्यांनी ताणें दोन परीक्षा पास जावप गरजेचें आशिल्लें. ह्यो दोनूय परिक्षा मोरारजी बरे तरेन पास जालो. गरजेच्यो तीन परिक्षा पास जालेउपरांत तो पयल्या वर्गांतलो जिल्लो दंडाधिकारी जालो.

1920 त अहमदाबादसावन मोरारजीची ठाण्याक बदली जाली. उपरांत तो प्रांत ऑफिसर म्हणून भडोचाक गेलो. देझेंब्र 1924 त ताची पंचमहालाक बदली जाली.

सरकारी नोकरेची अखेर

माय 1922 त मोरारजीभाई जिल्ल्याधिकाऱ्याचो निजी सचीव म्हणून अहमदाबादेक गेल्लो. त्या दिसांनी राजकी हवा बरीच तापिल्ली.

12 मार्स 1930 दिसा महात्मा गांधीन आपणाली इतिहासीक दांडी यात्रा सुरू केली. मोरारजीभाई ती पळोवपाक गेल्लो. सुरवातेक लोकांनी

हे कार्यावळीक व्हडलोसो उत्साह दाखोवंक नाशिल्लो. पूण गांधीजी आनी तागेले अंयशीं सत्याग्रही सांगाती दांडीक पावले तेन्ना सगलें गुजरात राज्य धवळून काडिल्ले भाशेन जाल्लें. त्याच राज्यांत कित्याकी? अख्ख्या देशांतूच व्हडलो बोवाळ जालो अशें म्हणूं येता. त्याच दिसा मोरारजीभाईन सरकारी नोकरेक सदांखातीर सोडचीट दिवपाचें थरयलें. पूण गोधराक ताचेआड एक सरकारी खात्याभितल्ली चवकशी चलताली.. ती सोंपसर नोकरी करप गरजेचें आशिल्लें. देखून ताणें थोडो काळ कळ सोंसची अशें थरयलें. पूण थोड्याच दिसांनी मोरारजीभाई वाजेलो आनी नोकरी सोडून मेकळो जालो. ते उपरांत कितें करचें असो प्रस्न उपरासलो. एक गजाल ताणें मतींत घट्ट घेतिल्ली. परकी सरकाराची वट्ट बारा वर्सां चाकरी करून आपणें आपणाले मायभुंयेचेर व्हडली आगळीक केल्या आनी ती चूक सुदरूंक जालेंना तरीय ताणें इल्लें प्रायश्चीत घेवप गरजेचें आशिल्लें. देखून ताणें उरिल्लें जिवीत देसाचे सेवेक ओंपपाचें थरयलें.

सरकारी चाकरी सोडिनाफुडें मोरारजीभाई रोखडोच कॉंग्रेसींत सामील जालो. ताणें स्वतः मिठाच्या सत्याग्रहांत केन्ना वांटो घेतलोना पूण कर ना दिवपाविशींचे चळवळींत तो भितर सरलो. सरकारान तेन्नाचे गुजरात कॉंग्रेसीक बेकायदेशीर संघटणा अशें जाहीर केल्लें. मोरारजीभाई रोखडोच हे कॉंग्रेसीचो उपाध्यक्ष जालो. धा दिसांभितर सरकारान ताका धरून बंदखणींत उडयलो. तीन म्हयने सक्तमजुरी आनी 300 रुपयांचो दंड अशी ख्यास्त ताका फर्मायली. मोरारजीभाईची ही जिवितांतली पयली बंदखण. ताका अहमदाबादेंत साबरमती बंदखणींत 'बी' वर्गांत दवरिल्लो.

बंदखणींतल्यान सुटलेउपरांत मोरारजीभाईन कैरा, सुरत आनी

पचंमहाल जिल्ल्यांची भोंवडी केली. 1932 त ताका परतीय बंदखण भोगची पडली. हे फावट ताका पयलीं पयलीं साबरमती जेलांत दवरलो आनी उपरांत नासकाक व्हेलो. थंयच्यान ताची 1933 त सुटका जाली. उपरांत ताणें परतोय गुजरात प्रदेश काँग्रेसीचो वावर हातांत घेतलो.

मोरारजीभाईन गुजरात काँग्रेसीचो सचीव म्हणून 1931 ते 1937 ह्या काळांत वावर केलो. मागीर तो तेन्नाच्या मुंबय प्रांताच्या काँग्रेस मंत्रीमडळांत सामील जालो. 1952 त तो मुंबयचो मुखेलमंत्री जालो. थोड्याच काळाभितर ताणें आपणाल्या मंत्रीमंडळावतीन बरो कारभार चलोवन लोकांची तोखणाय जोडली. ताणें चालीक लायिल्ल्या धोरणांमदीं सोरोबंदी सारकिल्यो कांय बऱ्यो गजाली आशिल्ल्यो. 1953-54 त ताणें शिक्षणीक मळार कांय नवीं पावलां घालीं. म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार मुळाव्या पावंड्यावयलें शिक्षण खातें पुरायेन बोर्डाकडेन सोंपयल्लें. मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान भुरग्याक दिवपाचीय वेवस्था नव्या धोरणांत आसपावन घेतिल्ली. हिंदी ही राष्ट्रभाशा जाल्ल्यान ती सक्तीची केल्ली. न्यायवेवस्था आनी राज्यशासन हीं वेगळीं वेगळींच उरूंक जाय ह्या मताचोय मोरारजीभाईन त्या काळांत पुरस्कार केलो. ह्या निमतान तेन्नाचे मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुखेली जस्टीस एम सी छगला हांचेकडेन कांय खेपे ताचे मतभेद उपरासले.

दादरा-नगर हवेलीचो प्रस्न

त्या काळार गोंय, दमण, दीव, दादरा आनी नगरहवेली हीं पुर्तुगेझ सरकाराच्या शेकापोंदां चलतालीं. सैन्याचो वा कसल्याय बळाचो वापर करिनासतना हीं सगलीं थळां मेकळीं करपाचें भारत सरकाराचें धोरण आशिल्लें. पूण पुर्तुगेझ सरकार नमतें घेवपाक तयार नासलें. पिटर

आल्वारीश बी गोंयचे कांय फुडारी गोंयचे मुक्तीची चळवळ चलयताले. डॉ. राममनोहर लोहियान 1946 त सुरू केल्ल्या सत्याग्रहान तांकां स्फूर्त दिल्ली.

1953-54 च्या काळांत दादरा आनी नगरहवेली हीं ल्हानशींच थळां पुर्तुगेझाकडेन आशिल्लीं आनी तेन्ना तीं मुंबयचे अधिकारकक्षेंत मोडटाली. दमण हें दर्यादेगेर आसा. ताका लागून पुर्तुगेझाचें दळणवळण दर्यांतल्यान थंयमेरेन जातालें. गोंयच्यान पुर्तुगेझ सरकाराचें शासन थंय कसलीच आडखळ नासतना चलतालें. पूण दादरा-नगरहवेलीकडेन संपर्क दवरपाक मुंबयच्यानूच वचचें पडटालें. त्या काळार मोरारजीभाईच्या सरकारान नाकेबंदी करून आनी निम-लस्करी पुलीस भोंवतणीं दवरून सत्याग्रह्यांक भितर सोडले आनी अशे तरेन दादरा आनी नगर हवेली मेकळीं केलीं. दादरा आनी नगरहवेली मुक्त जायनाबराबर गोंयचे सुटकेचीय चळवळ नेट धरूंक लागली. कांय लोकांक दिसतालें, दादरा-नगर हवेली मुक्त केली, तेच तरेन गोंयूय मुक्त करूं येतालें. पूण मोरारजीभाईचें चिंतप मातशें दुसरे भाशेन चलतालें.

गोंयचे सुटकेची चळवळ चलोवपाखातीर ज्यो समित्यो घडयल्ल्यो तातूंत दोन तरांचे लोक वावर करताले. एक समिती तेन्नाचे प्रजा समाजवादी पक्षावतीन पिटर आल्वारीशाच्या मुखेलपणाखाला घडयल्ली. दुसरी समिती कांय कम्युनिस्ट फुडारी चलयताले. डॉ. लोहियाय आपणाल्या कांय इश्टांवरवीं चळवळ चलयतालो. मुंबयचो मुखेलमंत्री ह्या नात्यान मोरारजीभाईन ह्या सगळ्यांकडेन लागींच्यान संपर्क दवरिल्लो. मोरारजीभाईचें ठाम मत आशिल्लें की गोंय मुक्तीची चळवळ अहिंसक मार्गांनूच वचूंक जाय. केंद्र सरकाराचेंय अशेंच धोरण आशिल्लें.

जायत्या जाणांक दिसतालें, मुंबयच्यान सरकाराचेर चेपण हाडपाचो वावर जावंचो. पूण मोरारजीभाईचो हे गजालीक विरोध आशिल्लो. ताका दिसतालें, पुर्तुगेझ सरकार हिंसक मार्गान सत्याग्रही चळवळीक हाताळटलो आनी गोंयांत दहशतीचें वातावरण निर्माण करतलो. सामान्य लोकांक भिरांतीची जीण जियेवंची पडटली. मुंबय सरकार मागीर लोकांक कसलेंच संरक्षण वा आलाशिरो दिवंक पावचेंना. सत्याग्रही गोंयां वचचेच जाल्यार ते मूळचे गोंयकार आसचे.

मजगतीं, गोंयां कांयकडेन हिंसक मार्गानूय पुर्तुगेझ सरकार उमथावन उडोवपाचे यत्न जावंक लागिल्ले. पूण पुर्तुगेझ सरकारूय तांकां त्याच मापान दहशतीन चिड्डुपाचो यत्न करतालें. दडपशाय आनी दमननितीचें राज्य चलतालें. सरसकट गोंयकार जनता भंयभीत जाल्ली आनी आंदोलन पेटनाशिल्लें; नेट घेनाशिल्लें. चडशा गोंयकारांक गोंय मुक्त जाल्लें जाय आशिल्लें ही गजाल खरी पूण तांचेकडेन दीर्घ काळ चळवळ चलोवपाची तांक नाशिल्ली. 400 वर्सांवयर राज्य केलेउपरांत पुर्तुगेज सरकार गोंयकारांक कसलीच चळवळ करपाक धील सोडूंक तयार नाशिल्लें. कॉँग्रेस संघटणा कसलोच उपाय येवजिनाशिल्ली. वैयक्तिक पांवड्यार कांय कॉँग्रेसवाले चळवळीक तेंको दिताले ती गजाल वेगळी.

गोंयच्या प्रस्नाचो हुस्को वाडत आशिल्लो. 1955 च्या अदमासाक कॉँग्रेसीभितरूच गोंयां सत्याग्रही धाडपाचे मागणेन नेट धरलो. हेर संघटणांकडेन वा पक्षांकडेन हें बळगें नासलें. देखून कॉँग्रेसीचीच ती नैतिक जापसालदारकी आशिल्ली. कॉँग्रेस पक्षांतले वावुरपी समितींत जेन्ना हाचेर भासाभास जाली तेन्ना मोरारजीभाईन विरोध दाखयलो. सत्याग्रह्यांचें गोंयां वचप हें जरी अहिंसक आसलें तरी तें पुर्तुगेझ

सरकाराआड झुजूच थारता आनी पुर्तुगेझ सरकारान शस्त्राचो वापर केल्यार भारत सरकार कांयच करूंक पावचेंना. मागीर काँग्रेसीआड लोकांचें वायट मत जातलें, भारत सरकाराविशीं गैरसमज पातळटलो आनी अखेरेक हाताक कांयच लागपाचें ना. निमाणें, 1955 त कांय सत्याग्रही गोंयां गेलेच. तातूंतल्या कांय जाणांक पुर्तुगेझांनी जिवानिशीं मारले; कांय जाण जखमी जावन पुर्तुगेझांच्या हाताक लागले.

सत्याग्रह्यांचेर फारपेट केल्ल्यान ही चळवळ थंडावली. इतले मजगतीं गोंयच्या लोकांक आनी हेर भारतीयांक दिसतालें, भारत सरकारान सैन्याचो वापर करुनूच गोंय मेकळें करचें पडटलें. दुसरो आनीक उपाय पुर्तुगेझाच्या आडमुठ्या धोरणामुखार चलपाचो ना. अखेरेक, 1961 मेरेन वाट पळोवन पळोवन भारत सरकाराक अशेच तरेचें पावल घालचें पडलें.

संयुक्त महाराष्ट्राची चळवळ

आंध्र प्रदेशांत श्री. पोटी श्रीरामल हाणें स्वतंत्र आंध्र प्रदेशाची मागणी करपा निमतान व्हडलें उपोशण केलें आनी तातुंतूच ताका मरण आयलें. ताज्या मरणाउपरांत आंध्रांत जायत्यो हिंसक घडणुको घडल्यो. श्रीरामलाच्या मरणान म्हणात वा ताचे मागणेफाटलीं तत्त्वां म्हणात, मानून घेवन केंद्र सरकारान वेगळो आंध्र प्रदेश घडपाक मान्यताय दिली. 1953 त जवाहरलाल नेहरून त्या वर्साच्या ओतुब्रांत राज्याची स्थापना जातली अशें जाहीर केलें. सोमतेंच मोरारजीभाईन नेहरूक कळयलें की ह्या निर्णयाचे परिणाम भयानक जावं येतात आनी देसाच्या एकवटाक खूब बादिकार येवं येता. कारण अशे तरेच्यो भाशीक राज्यांखातीर आनिकूय जायत्या लोकांच्यो वेगळ्यो मागण्यो आसतल्यो.

ह्या मागण्यांक मागीर कांयच धरबंद उरचोना आनी त्यो आळाबंदा हाडप कठीण जावं येता. पूण जवाहरलालजीन मोरारजीभाईची सुचोवणी कानामनार घेतलिना.

आंध्र राज्याविशींचो थाराव जाहीर करतकूच रोखडीच नेहरून राज्य पुनर्रचणूक आयोगाची स्थापणूक करून भाशावार प्रांतरचना करपाचें धोरण थरयलें. मोरारजीभाईन आपले परीन ह्या धोरणाक विरोध चालूच दवरिल्लो. अशे तरेचें धोरण आनीक धा वर्सांनी जाय जाल्यार लागू करचें अशीय सुचोवणी दिल्ली पूण तिचो कांयच उपेग जालोना.

मुंबयसकट संयुक्त महाराष्ट्र करपाची मागणी थोड्या काळासावन जायत आशिल्लीच. नव्या धोरणान तिका आयतोच वाव आनी नेट आयलो. 1953 त आंदोलन खर जालें आनी ताणें हिंसक मोडण घेतलें. आचार्य शंकरराव देव हांणी साबार पक्षांक एकठांय हाडून एक संयुक्त महाराष्ट्र समिती घडयली आनी तिचेवरवीं आंदोलन बळावत गेलें.

खूबशा जाणांक मुंबय वेगळीच दवरिल्ली जाय आशिल्ली. कारण मुंबय ही भोवधर्मी भोवभाशी अशी महानगरी. पूण मराठी फुडाऱ्यांक तडजोड मान्य जायनासली. सत्तेर आशिल्ल्या मोरारजीभाईच्या सरकाराचो हाका विरोध आशिल्लो. परिणामी, कांय हिंसक घडणुको जाल्यो आनी कांय लोक मेले. मोरारजीभाईक खूब मनस्ताप भोगचो पडलो आनी विरोध सोंसचो पडलो. अशा वेळार ताका स. का. पाटलासारकिल्या वरिश्ठ कॉंग्रेसी फुडाऱ्यान खूब तेंको दिलो. पूण केंद्राकडेन ताचो कांयच उपेग जालोना.

मजगतीं, मुंबय शारांत दंगे जावंक लागले आनी समाजांत अशांतताय पातळूंक लागली. अशा वेळार मोरारजीभाईच्या कणखर फुडारपणाचो बरो कस लागलो. तीन दिसांभितर मुंबयंत शांतताय प्रस्थापीत करपांत मोरारजीभाईक येस आयलें.

जानेवारी 1956 त केंद्र सरकारान राज्य पुनर्रचणूक मंडळाचे सुचोवणेवयल्यान गुजरात आनी महाराष्ट्र हीं वेगळीं राज्यां घडोवपाचो आनी मुंबय हो केंद्रशासीत प्रदेश म्हणून दवरपाचो निर्णय जाहीर केलो.

मुंबयसावन दिल्लींत

1952 तूच, मुंबयचो मुख्यमंत्री जालेउपरांत जवाहरलाल नेहरू, मोरारजीभाईक दिल्लीक आपयतालो. 1953 त गोपालस्वामी अय्यंगार हाच्या मरणाउपरांत नेहरूक कोण तरी एक तेच तोडीचो बरो सहकारी जाय आशिल्लो. पूण हांगा मुंबयंत संयुक्त महाराष्ट्राची चळवळ चड नेटान चलूंक लागिल्ली देखून मोरारजीभाईन हो निर्णय फुडें धुकललो. मजगतीं, संयुक्त महाराष्ट्राच्या प्रस्नावयल्यान तेन्नाचो केंद्रीय अर्थ मंत्री चिंतामणराव देशमुख हाणें राजिनामो दिल्लो. नेहरूची अशे तरेन बरीच अडचण जाल्ली.

अखेरेक 1956 त मोरारजीभाई केंद्री मंत्रिमंडळांत वेपार आनी उद्योग खात्याचो मंत्री म्हणून रुजू जालो. त्या वेळार ताका केंद्री मंत्रीमंडळांत चवथे सुवातेर दवरिल्लो. मंत्री जातकूच आयात-निर्यात धोरण, शेती खातें बी साबार वाठारांनी मोरारजीभाईन कांय म्हत्वाचीं सुदारपां घडोवन हाडलीं, पांचवर्सुकी येवजणो चालीक लावपाचे नदरेनूय जायतो वावर करिसारको आशिल्लो. कांय काळाउपरांत मोरारजीभाई

भारताचो अर्थ मंत्री जालो.

मोरारजीभाई अर्थ मंत्री आसतना ताची कारकीर्द बरीच गाजली. मुंदडा प्रकरण हें तातूंतलेंच एक. 1957 त ही गजाल फिरोझ गांधी (इंदिरा गांधीचो घोव) हाणें पयले फावट लोकसभेंत काडली. मुंदडा हांचे वतीन चलपी कांय कंपन्यांविशीं गंभीर स्वरुपाच्यो कागाळी आशिल्ल्यो. रोखे गैरवेव्हाराचोय ताचेर आरोप आशिल्लो. आयुर्विमा म्हामंडळान मुंदडांक व्हडलीं रिणां दिल्लीं आनी तीं दिवपांत टी टी कृष्णम्माचारी हाचो हात आशिल्लो. हाका लागून लोकसभेंत मोटो बोवाळ जालो. मुंबय उच्च न्यायालयाचो तेन्नाचो मुख्य न्यायाधीश छगला हाचे यजमानकेखाला एक वासपूस आयोग नेमिल्लो.

ह्या मुद्द्यावयल्यान 1958 त कृष्णम्माचारी हाणें राजीनामो दिवंक केलो पूण वासपूस सोंपसर तो मानून घेवप जालेंना.

छगलान आपणालो अहवाल दिल्ले मुदतीभितर सादर केलो. त्या अहवालांत कृष्णम्माचारीच्या कारभाराचेर बरीच टिका आसली. टी टी कृष्णम्माचारीक अर्थ मंत्रीपदाचो राजिनामो दिवंचो पडलो. ताचेउपरांत 1958 त मोरारजीभाई अर्थ मंत्री जालो.

विदेश भोंवडी

सेतेंब्र 1958 त मोरारजीभाई पयलेच फावट परदेशांत गेलो. ही परदेस भोंवडी अर्थ मंत्री ह्या नात्यान इंग्लडांत आशिल्ली. पूण थंय वचचेपयलीं मोरारजीभाईन आपूण वासीन मात करून घेवंचोना अशी अट घालली. तत्व म्हणून मोरारजीभाई सैमीक उपचारांचेर भरवंसो दवरतालो आनी वासिनाआड आसलो. आजवेर ताणें सदांच तें पाळ्ळां.

इंग्लंडांत कामां सोंपोवन मोरारजीभाई मागीर अमेरिकेक वचून आयलो. थंयचीं उलोवणीं यसस्वी जाल्लीं. पयलेच फावट मोरारजीभाई इंग्लंडाक आनी अमेरिकेचे भोंवडेर गेल्लो.

दिल्लीक वतकच ताचें पयलीं चडशें रावप रामनाथजी गोएंका हागेर जातालें. नेहरूक तो आपणागेर रावचो अशें दिसतालें कारण वेळा-वेळार सल्लो दिवपाक ताचेइतलो बरो मनीस त्या वेळार आनीक कोण नाशिल्लो पूण केंद्री मंत्री जातकूच अर्थांत सगलेंच बदललें. ताका रावपाक स्वताचो बंगलो बी सगलें आशिल्लें. तरीय जावन मोरारजीभाई सदांचेवरी गांधीवादी रितीन सादेपणानूच रावतालो. मंत्री जातकूच लेगीत हातूंत व्हडलोसो फरक पडलोना.

जेवणाचे बाबतींत मोरारजीभाई कडक शाकाहारी म्हणल्यार आमचे भाशेंत शिवराक मनीस. 1957 त बनारसांत 'शिवराक कॉंग्रेस' नावाचें शिबीर भरिल्लें. मोरारजीभाई थंय खास आमंत्रीत आशिल्लो. थंय ताणें शिवराक आहाराचेर बरें उलोवप केलें. पूण कोणाक आहाराचे बाबतींत सक्ती करची न्हय अशेंय ताचें म्हणणें. शाकाहारी लोकांनी आपूण शिवराक जेवपी म्हणजे कोण व्हडलो अशेंय समजुपाची गरज ना अशीय शिटकावणी मोरारजीभाईन दिली. आहार ही दरेकाची व्यक्तिगत संवय आनी आवड.

हेच बनारस भेटेंत मोरारजीभाईन काशी विद्यापिठांत वर्सुकें व्याख्यान दिलें. काशी विद्यापीठ आनी गुजरात विद्यापीठ एकाच वेळार 1920 त सुरू जाल्लीं. दोगांयचीं ध्येयां आनी उद्दिश्टां सारकींच आशिल्लीं. पूण 1957 मेरेन हातूंत बरोच बदल जाल्लो. काशी विद्यापीठ पयलींच्या ध्येय धोरणापसून बरेंच पयस पाविल्लें. देखीक खादीचो वापर

आनी हेर कांय गजाली पयलींवरी स्रध्देन आनी नेटान चलनाशिल्ल्यो. आपणाल्या उलोवपांत मोरारजीभाईन खेदान ह्या गजालींचो मुद्दम उल्लेख केलो.

1957 चे अखेरेक मोरारजीभाई तमिळनाडांतल्या गांधीग्रामांत वचून आयलो. महात्मा गांधीच्या तत्वांचेर आदारीत कांय बऱ्यो शिक्षणीक संस्था जी रामचंद्रन थंय चलयतालो. मोरारजीभाईन थंय एक भाशण दिलें. ताचेपयलीं रामचंद्रन हाणें मोरारजीभाईची वळख लोकांक करून दितना 'हो भारताचो फुडाराचो प्रधानमंत्री' अशें म्हणलें. हाका लागून मागीर लोकांचो इल्लो बोवाळ जालो आनी गैरसमजूय जाले. मोरारजीभाईक रामचंद्रनाचें अशें उलोवप आवडूंक नाशिल्लें.

युरोप, अमेरीका आनी जपान भोंवडी

1959 त वॉशिंग्टनांत संवसारीक बँक आनी आंतरराष्ट्रीय नाणें निधीची बसका जावपाची आशिल्ली. त्याच अदमासाक लंडनांत राष्ट्रकूल परिशदूय भरपाची आशिल्ली. अशे तरेन दुसरी विदेश भोंवडी करपाचो योग मोरारजीभाईक मेळ्ळो. पयलीं मोरारजीभाई लंडनाक गेलो. वाटेर जिनेवा आनी परीसाकूय ताणें धांवती भेट दिली. मदीं केन्ना तरी स्वित्झरलंडाकूय पासय मारली, फ्रांसांत ताणें जनरल द गॉल ह्या नामनेच्या राष्ट्राध्यक्षाची भेट घेतली. गॉलाच्या व्यक्तिमत्वान मोरारजीभाई थटाकलो आनी प्रभावीत जालो. फ्रांसाक उदरगतीचे तेंगशेर व्हरपाक तो त्या काळार धडपडटालो हें नितळ बरें जाणवतालें. ताका भारताकडेन इश्टागत करून बरे संबंद वाडोवचेलो खूब इत्सा आशिल्ली. फ्रांसेझ प्रधानमंत्री आनी अर्थ मंत्र्याचीय भेट ताणें घेतली. नामनेच्या आयफेल टावरावयल्यान मोरारजीभाईन पारिसाचें दर्शन घेतलें. जपानांतूय

असोच एक मिनार आसा जो आयफेलापरसूय उंच आसुंये. मोरारजीभाईन ताकाय भेट दिली. उपरांत तो न्यू यॉर्काक गेलो. थंयय ताणें जायत्या म्हत्वाच्या लोकांच्यो भेटी घेतल्यो आनी तांचेवांगडा भारताविशीं तरेकवार विशयांचेर भासाभास केली. जंय जंय मोरारजीभाई वतालो थंय थंय ताचीं भाशणां जातालीं आनी उपरांत लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाची कार्यावळ, खबरापत्रा आनी हेर प्रसिध्दी माध्यमांच्या प्रस्नाक वेवस्थीत जापो दिवन तांकां ओगी करप हो छंद मोरारजीभाईक सदांच आसा. अमेरिकेचे भोंवडेंतूय हाचो खूब फावटीं पडताळो आयलो. मुद्देसूद, तर्कशुद्ध आनी धिरिश्ट सडेतोड जापो दिवपाक मोरारजी-भाईचो हात धरपी ह्या देसांत तरी कोण आसचोना. निर्भीडय आनी निर्भीडताय हे गूण आनी तांची पोसवण ही गांधीवादाची ताका मेळिल्ली देणगी अशेंच सगले लोक म्हणटात. अमेरिकेंतल्या लॉस एंजेलीस प्रांताक भेट दिली तेन्ना थंय जाल्ले वार्ताकार भेटेंत ताची एक बऱ्यातली बरी देख जगाक पळोवंक मेळ्ळी.

विदेशी पत्रकारांकडेन उलयतना वा तांच्या प्रस्नांक जापो दितना आमच्या देसाचो स्वाभिमान खंयच दुखोवचो ना हाची मोरारजीभाई सदांच जतनाय घेतालो. ताच्या उलोवण्यान दुसऱ्या देसाचो अपमान जातासो दिसल्यार लेगीत तो मातूय अनमन नासतना देसाची शान सांबाळून जापो दितालो.

लॉस एंजेलीसाक गेल्लेकडेन एका सभाग्यान मोरारजीभाईक विचारलें, 'तुवें आतांच सांगलां, अमेरिकेन भारताक खूब आदार दिला देखून भारत अमेरिकेचे उपकार मानता. मागीर भारत सरकार आमचे विदेश नितीक कित्याक विरोध करता ? तुका दिसना, तुमी आमचे विदेश नितयीक विरोध करपाचें सोडून आमकां तेंको दिवंचो अशें ? हो

प्रस्न चीन देसाक युनोंत प्रवेश दिवपाच्या भारताच्या धोरणा संबंदान आशिल्लो. भारत चीनाच्या युनो प्रवेसाक तेंको दितालो जाल्यार अमेरिका ताका विरोध करताली. मोरारजीभाईन जाप दिली :

'तुवें एक उपयोगाचो म्हत्वाचो प्रस्न विचारला. ताका लागून तुमचे जायते नाकाशिल्ले दुबाव पयस करपासारकी जाप म्हज्यान तुमकां दिवं येता. अमेरिका आनी भारत हे दोनूय आपापले परीन स्वतंत्र आनी सार्वभौम देस. अमेरिका भारताक पालव दिता तो विनाअटींचो आनी जों वेर तातूंत कसल्योच अटी नात तेंवेरूच ताचो आमकां उपेग आसा. आमी अमेरिकेंच्या विदेश वेव्हाराच्या धोरणाक विरोध करतांत अशें म्हणप साप चुकीचें. पूण जंय आमचे मतभेद आसात थंय भारत आपणालीं मतां स्पश्टपणान आनी मेक्ळेपणान मांडटा. भारताक अशें करपाची पुराय मेकळीक आसा आनी ताका आपणालीं हक्काचीं स्वतंत्र मतां आसात'.

'चीनाक आजवेर युनोंतल्यान भायर दवरला. आमकां हातूंत अन्याय दिसता आनी अमेरिकेचें हे बाबतींतलें विरोधाचें धोरण आमकां समा दिसना. युनो ही साबार देसांची संघटणा. त्या त्या देसांत खंयचे तरेच्यो राजवटी वा सरकारां चलतात हांचेरूय युनो लक्ष दिना. तीं सरकारां मागीर लोकशायी, हुकूमशाय वा कम्युनिस्ट धोरणाचीं लेगीत आसल्यार जातात. सगल्या तरांच्या सरकारांक तातूंत सुवात आसा हातूंतूच ताचें खाशेलेपण आनी उपयोगिता आसपावता. रशियेसारकिलो साम्यवादी देस युनोचो वांगडी आसूं येता. मागीर चीनाक प्रवेश दिवप ना हें तुमकां अन्यायाचें असें दिसना ? फोर्मोझाक चीनाचो प्रतिनिधी म्हणून रावपाचो अधिकार ना. ह्या संदर्भांत आनी हेच नदरेन युनोचे

बाबतींत आमी आमचें मत मांडटात. तुमकां जर दिसता आसत की अमेरिका भारताक पालव दिता म्हणून भारतान आपणालें धोरण बदलचें जाल्यार तुमकां अशा मताची मेकळीक आसा. पूण आमच्या मतान मात तें योग्य न्हय; आमकां स्वतंत्र मत आसूं नजो अशें तुमकां दिसता जाल्यार तुमी तुमच्या अध्यक्षांक सांगचें, भारताक पालव दिवं नाका म्हणून. आमकां आदार जाय पूण नाकाशिल्ल्या अटींसयत न्हय. अमेरिका अटींबगर आदार दिवपाचो नासल्यार आमकां आदार घेवपाचो ना.'

इतल्या सडेतोडपणान आमी मनमेकळेपणान दिल्ले जापेचो परिणाम भारताचे नदरेन फायद्याचोच जालो. बसकेक हाजीर आशिल्ल्या तमाम लोकांनी भारताचो पाखो घेतलो आनी अमेरिकी प्रस्नकर्त्याक धारेर धरलो.

गोंयची सुटका

1961 च्या ओतुब्र म्हयन्यांत आफ्रो-आशियाई असोसिएशनाची बसका जाली. दक्षीण आफ्रिकेंतली वर्णभेदाची राजवट आनी हेर कांय आफ्रिक्री देसांची सुटका करपाचे बाबतींत हे बसकेंत चर्चा जाली. परिशदेक आयिल्ल्या वांगड्यांक दिसतालें, पुर्तुगेझ राजवटीकडल्यान कांय देस शस्त्राचो वापर करून मेकळे करचे. मोरारजीभाईन सांगलें, अहिंसक मार्गानूच तांची मुक्तताय करप समा जातलें, मोरारजीभाईन परिशदेंत वांटो घेवंचो पूण अहिंसक उपायाविशीं उलोवंचें न्हय अशें कोणें तरी ताका सुचयलें. पूण सभावीकपणान मोरारजीभाईन ही सुचोवणी भायर मारली.

हे उपरांत थोड्याच काळांत राज्यपालांची एक परिशद जाली. थंयूय अध्यक्षान गोंयच्या संदर्भांत शांततामय तोडग्याचोच पुनरुच्चार केलो. पुण नोव्हेंब्राचे सुरवेक काय देझेंब्रांत केन्ना तरी खबर पातळ्ळी भारतीय सैन्याच्यो कांय तुकड्यो गोंयचे शिमेर, म्हणल्यार बेळगांवां, एकवटून रावल्यात म्हणून सुमार 30,000 सैनीक आशिल्ले. गोंयची सुटका सैन्याक धाडून भारत सरकार करूंक सोदता अशी अफवा फांकिल्ली. हे बाबतींत जवाहरलालजीन मंत्रिमंडळाक विस्वासांत घेवंक नाशिल्लें. कृष्ण मेनन हांकां सोडल्यार हेर कोणाचोच सल्लो जवाहरलालजीन घेवंक नाशिल्लो. खरें म्हणल्यार, सैनीक रेल्वेंतल्यान बेळगांवां गेल्ले म्हणटकच रेल्वे मंत्रालयाक तरी ताणें कळोवंक जाय आशिल्लें. पूण तेंय करप नेहरूक गरजेचें दिसलेंना, खाशेल्या रेल्वेगाडयांतल्यान सैनिकांच्यो तुकड्यो बेळगांवां व्हेल्ल्यो. ताका लागून विंगड विंगड तरांच्यो खबरो सगल्याक जावंक लागिल्ल्यो.

देझेंब्राचे अखेरेक जाल्ले एके बसकेंत नेहरून संरक्षण समितीक कळयल्लें आनी खंयचे तारखेक गोंयचेर घुरी घालची तें समितीन थारावंचें अशें सुचयल्लें. मोरारजीभाईन एकल्यानूच हे गजालीक विरोध केलो. पूण ताचो नेहरूचेर कांयच परिणाम जालोना.

भारतीय सैन्य गोंयांत आयलें आनी ताणें गोंय घेतलें. पुर्तुगेझान व्हडलोसो प्रतिकार केलोच ना. मोरारजीभाईक दिसतालें की 200 वा 300 पुलीस धाडल्यार लेगीत हें काम करूं येतालें. पूण संरक्षण मंत्रालयाक चुकीची म्हायती मेळिल्ल्यान ताका पुर्तुगेझ सैन्याविशीं वेगळो भ्रम आसलो.

उपरांत बिहारांत कॉंग्रेसीचें अधिवेशन जालें तेन्ना गोंयच्या

प्रस्नावयल्यान भासाभास जाली. कृष्ण मेननान एक थाराव हाडलो आनी म्हळें की गोंयां सैन्य धाडपाची करणी कॉंग्रेसीच्या आनी भारत सरकाराच्या धोरणाप्रमाण जाली. पूण मोरारजीभाईन ह्या थारावाक नेटान विरोध केलो. ताचें म्हणणें आसलें की जें कितें केल्लें तातूंत आमची चूक आसली आनी अनैतिकताय आशिल्ली. ताका लागून आंतरराष्ट्रीय मळार आमकां जायतीं उणीं उतरां आयकून घेवंचीं पडटलीं आशिल्लीं. गोंयांत भारतीय सैनिकांनी कांय अत्याचार केले आनी लुटालूट केल्ली हाचेय पुरावे मोरारजीभाईकडेन आशिल्ले.

मोरारजीभाईचें म्हणणें अशें :

भारतान अमेरिका, इंग्लंड बी भायल्या व्हडा शक्तींक सांगपाचें, आमी तुमकां एका वर्साची मुजत दितात. तितलेभितर शांततायेच्या मार्गान जर पुर्तुगेझ आयकनात जाले जाल्यार भारताक सैन्याचो वापर करून गोंय घेवंचें पडटलें. पूण भारतान अचकीत अशी कारवाय केल्ल्यान भारताचे इश्ट देस आनी नेहरूचो, कॅनॅडिसारकिलो बरें मागतो दोस्तूय अडचणींत आयलो. उपरांत ताणें खूब शीण काडलो आनी थोड्यांनी भारताचेर टिका केली जाल्यार हेरांक भारताचो पाखो घेवप कठीण गेलें.

बिहारच्या अधिवेशनांत कृष्ण मेननान भारताच्या कर्तुबाचें समर्थन करतना म्हणिल्लें, सरकार देसांत हिंसक दंगली जातात तेन्ना तांकां आळाबंद हाडपाक सैन्यबळाचो वापर करता तें कायदेशीर आनी नैतिक थारता. गोंय हो भारताचोच एक अविभाज्य वांटो. सैनिकी कारवाय ही अशे तरेन समा थारता. पूण हो युक्तिवाद सारको न्हय म्हणपाचें दाखोवन दिवपाक मोरारजीभाईन सांगलें:

'सरकार जेन्ना देसांतल्या दंगलींक आनी हिंसाचाराक आळाबंद हाडपाक सैन्यबळाचो वापर करता तें सरकारच्या धोरणांत सामकें फावोशे तरेन बसता पूण भारताचो कुडको - गोंय-पुर्तुगेझ सरकाराच्या शेकातळा आसा हें एक इतिहासीक सत्य आनी तें आमकां मानचेंच पडटा. तें भारत सरकाराच्या शेकातळा येना आनी भारतीय कायद्याप्रमाण थंयचें राज्य वा राजकारभार चलना. देखुनूच गोंयचो प्रस्न हो एक आंतरराष्ट्रीय स्वरुपाचो प्रस्न जावंक पावलो. आमचें संविधान जें धोरण चालीक लायता तेप्रमाण आंतरराष्ट्रीय प्रस्न अहिंसक मार्गान वाटाघाटींनीच सोडोवंक जाय अशें आमी सदांच म्हणीत आयल्यात. फाटलीं चवदां वर्सां आमी हें जगाक सदांच सांगीत आयल्यात आनी आतां अकस्मात आमच्यांनी रातयांत ह्या धोरणांत बदल करूं येता व्हय ? दोन म्हयन्यां फाटींच खुद्द प्रधानमंत्री जवाहरलालजीन अमेरिकेंत आमच्या शांततायवादी धोरणाचो पुनरुच्चार केला. देखून आमचें हें पावल सामकें चुकीचें थरलां हाचेविशीं म्हाका तरी इल्लोय दुबाव उरूंक ना.'

कृष्ण मेननान अर्थातच हें म्हणणें कशेंच मानून घेतलेंना. पूण जवाहरलालजीक हातूंतलें सत्य पटलेबगर रावलेना. ताणें त्या थारावांत कांय सुचोवण्यो करपाक मोरारजीभाईकूच फुडें काडलो. पूण मोरारजीभाई तयार जालोना.

पूण इतलेंय जालें तरी फुडें विदेशांत भोंवडेर गेल्लेकडेन मोरारजीभाईन योग्य संकेत पाळ्ळे आनी नेटान भारत सरकाराच्या गोंयाविशींचे कृतीचें समर्थन केलें. 1962 त संवसारीक बँकेचे बसकेक मोरारजीभाई अमेरिकेक गेलो तेन्ना ताची राष्ट्राध्यक्ष जॉन कॅनॅडीकडेन भेट जाली. गोंयच्या विशयारूय उलोवणीं जाली. कॅनॅडीन म्हळें, भारतान हें पावल घालें हाचो आपणाक अजापाचो धक्को बसलो.

फाटल्यान ओतुब्र-नोव्हेंब्रांत खुद्द जवाहरलालजी अमेरिकेंत गेल्लो तेन्ना ताणें भारताचें गोंयच्या प्रस्नाचेर शांततायेचें धोरण आसतलें अशें म्हणिल्लें आनी सैनिकी कारवायेची तातूंत मात लेगीत सुलूस नाशिल्ली. ताका जर हें पावल घालपाचेंच आसलें जाल्यार ताणें आपणाक मातसो विस्वासांत तरी घेवपाचें असोय कॅनेडीन शीण काडलो. जायते नाकाशिल्लें गैरसमज टाळूं येताले अशें ताणें उलोवन दाखयलें. मोरारजीभाईचीं स्वताचीं मतां कॅनॅडीक खबर आशिल्लीं. पूण नेहरूक तेंको दिवप आनी भारताच्या धोरणाक उखलून धरप मोरारजीभाईचें कर्तव्य आशिल्लें. ताका पाळो दितना ताणें म्हणलें;

'म्हजीं ह्या विशयावलीं स्वताचीं मतां तुका खबर आसात. पूण तुवें हे बाबतींत ह्या प्रस्नाक एक दुसरी वट आसा तीवूय नदरेंत घेवंक जाय. तुज्या देशानूच खुद्द शांतीकायेच्या मार्गान आंतरराष्ट्रीय प्रस्न सोडोवपाचें धोरण अजून आपणावंक ना. कांय वर्सा पयलीं क्युबाचेर आक्रमण करपाक तुवें पावलां घाली ताचें तूं अजुनूच समर्थन करता. अशा वेळार गोंयच्या संदर्भांत तुमकां आमचेर आरोप करपाक खंयचो अधिकार आसा ? जवाहरलालजीक हो प्रस्न शांततायेच्या मार्गानूच सोडोवपाचो आशिल्लो पूण ताका हो निर्णय घेवंचो पडलो तो लोकमताचो आदार राखपाखातीर. कांय वेळार लोकमताफुडें कांय तत्वांक हार खावंची पडटा. जवाहरलालजीचेर येद्या व्हडल्या देसाची केदी जापसालदारकी आसा तें तुमकां खबर आसाच. अशो स्थितींत लोकमताच्या हुंवाराक ताणें कितलो तेंप कशो तरेन आडावं येतालें ? तुमी ह्या प्रस्नाकडेन पळयतना ह्याय गजालींचो मातसो विचार करूंक जाय'.

कॅनॅडी, मोरारजीभाईच्या ह्या युक्तिवादान प्रभावीत जालो. पूण ताचो, आपणाक विस्वासांत घेतलोना म्हणपाचो मुखेल शीण मात तसोच

उरलो. मोरारजीभाईसयत देसांतल्या जायत्या जाणकारांच्या मतान गोंयचे बाबतींत कृष्ण मेननान ताकतीक केली ती आपणाली फुडली वेंचणूक सुरळीत जावंची ह्या हेतान ताका मुंबयच्यान वेंचणूक तिकेट मेळपाक विरोध आशिल्लो तो कडेक काडपाचे नदरेन अशें तरेची सनसनाटी कृती ताका गरजेची दिसली जावंये. मोरारजीभाईकूय हातूंत तथ्य दिसतालें. वेंचणुके उपरांत जर गोंयच्या प्रस्नाची ताकतीक केल्ली जाल्यार कोण कांय म्हणचो नाशिल्लो.

कृष्ण मेननाचीं धोरणां हरशींय जाल्यार मोरारजीभाईक केन्ना मानवलिंनात. मेनन कम्युनिस्ट धार्जिणो अशी ताची प्रतिमा आसली. मोरराजीभाई जाल्यार कम्युनिस्टांचचो कट्टो विरोधक. मोरराजीभाईपरस कृष्ण मेननूय कितें उणो तोंडफटकळ न्हय. ताका लागून दोगांचीं मतां जुळप तशें कठिणूच आशिल्लें. इतलेंय आसून फुडले वेंचणुके वेळार मेननाक मुंबयच्यान लोकसभेखातीर कॉंग्रेसीची तिकेट मेळ्ळी आनी मोरारजीभाईन ताचेखातीर प्रचार केलोच. मोरारजीभाई हो धोरणाक, तत्वांक आनी मतांक विरोध करतालो. व्यक्तिगत पांवड्यार कोणाकूच तो आपणालो दुस्मान मानिनासलो.

1963 त मोरारजीभाईन आपणालें गाजिल्लें 'भांगर नियंत्रण बी' मांडलें आनी नवो सुवर्ण कायदो आयलो. भायल्यान चोरयां भारतांत येवपी भांगराचेर नियंत्रण येवंचें आनी एकंदर भांगराविशीं लोकांच्या मनांतली ओड उणी जावंची म्हणून हें धोरण आशिल्लें. चीनान भारताचेर आक्रमण केल्ल्यान भारताची आर्थीक घडी विस्कटिल्ली. तेवूय बाबतींत अर्थसंकल्पांत तजवीज करची पडिली. अर्थ मंत्री ह्या नात्यान मोरारजीभाईक कठोर निर्णय आनी कारवाय करची पडिल्ली.

सत्तेची बचत येवजण

सरकारी येणावळ वाडोवपाचे चार मार्ग आसतात. कर बसोवप, लोकांकडल्यान रीण घेवप, परदेशी रीण घेवप आनी सरकारी आस्थापनांतल्यान फायदो मेळोवप. ह्या सगल्या वाटांतल्यान दुडू उबारपाचो कठीण वावर त्या वेळार अर्थ मंत्री ह्या नात्यान, मोररजीभाईचेर येवन पडिल्लो. ही कठीण जापसालदारकी ताणें हिकमतीन निभायली.

1964 त जवाहरलाल नेहरूंक मरण आयले उपरांत मोरारजीभाईक प्रधानमंत्री करचो अशें कांय खासदारांक दिसतालें. दुसरी व्यक्ति रिंगणांत आशिल्ली ती म्हणल्यार लालबहादुर शास्त्री. मोरारजीभाईक एकमताचो सदांच आग्रो. वेंचणूक लडोवप आनी थोड्यांचो विरोध सोंसप ताका जमनाशिल्लें. तो वेंचणुकेंतल्यान फाटीं सरलो आनी अशेतरेन लालबहादुरशास्त्री एकमतान भारताचो प्रधानमंत्री जालो.

1966 त ताश्कंदाक अचकीत लालबहादूर शास्त्रीच्या मरणाउपरांत परतोय भारताचो प्रधानमंत्री जावपाचो मोरारजीभाईक योग आयिल्लो, पूण इंदिरा गांधी फुडें आयली आनी मोरारजीभाईची संद परती एक फावट चुकली. तो मागीर इंदिरा गांधी मंत्रीमंडळांत उपप्रधानमंत्री आनी अर्थ मंत्री मात जालो.

इंदिरा गांधीचे कारकिर्दींत जायते म्हत्वाचे अर्थीक निर्णय आनी बदल जाले. तातूंतल्या म्हत्वाच्या गजालींचेर त्या त्या वेळार मोरारजीभाईन आपणालीं मतां मेकळेपणान मांडल्यांत. बँकांचें राष्ट्रीकरण, राजा म्हाराजांचे तनखे बंद करप आदी गजाली हातूंत आसपावतात. इंदिराजींच्या मंत्रीमंडळांत आसतना मोरारजीभाईच्या अणभवाचो आनी गिन्यानाचो प्रधानमंत्र्यांक, पक्षाक आनी राष्ट्राक खूब फायदो जालो. पूण

मोरारजीभाईच्या सडेतोडपणाक लागून आनी तत्वाधिश्ठित राजकारणाक लागून इंदिराजींचो ताचेविशींचो आदर मात उणो उणो जायत गेलो. आपणाले सत्तेक मोरारजीभाईच्या आसपांत खूब व्हडलो धोको आसा ह्या भंयाच्या चेपणाखाला ती सदांच आसताली.

डॉ. झाकीर हुसेनाच्या मरणाउपरांत राष्ट्रपतीपदाचो उमेदवार सोदून काडपाच्या वेळार मोरारजीभाई आनी हेर जायत्या जाणांक संजीव रेड्डी जाय आसलो. पूण इंदिरा गांधीक हें मान्य नासलें. तिच्या मनांत वी वी गिरीक राष्ट्रपती करपाचें आसलें. ह्या कारणाक लागून काँग्रेस पक्षांत दोन तट पडले आनी 1969 त ह्या निमतान पक्ष फुटलो. अखेरेक वी वी गिरी राष्ट्रपती म्हणून वेचूंन आयलो.

1969 त जुलयाचे 16 वेर मोरारजीभाई अर्थ मंत्रायलाच्या आपणाल्या कार्यालयांत बशिल्लो. इतल्यान प्रधानमंत्र्याचें एक खाशेलें पत्र घेवन साडेबारांक सुमार एक मनीस आयलो. उपरांत देडाक सुमार प्रधानमंत्र्यानी मोरारजीभाईक विचारी नासतनाच ताचेकडलें अर्थ खातें काडून घेतलां म्हणपाचें जाहीर केलें. हाचेवयल्यान स्पश्ट जाल्लें की प्रधानमंत्र्याक मोरराजीभाईकडेन ह्या विशयाचेर उलोवपाचें नाशिल्लें. हो खरेपणीं मोरारजीभाई सारकील्या कर्तबगार आनी नामनेच्या मनशाचो सरळ सरळ अपमान आशिल्लो. मोरारजीभाईक हो अपमान कसो सहन जायत ? ताणें समतोच आपणालो राजीनामो धाडून दिलो आनी मेकळो जालो. अर्थ मंत्रीपद नासतना बेठोच उपप्रधानमंत्री रावपांत अर्थ नासलो.

आपणाल्या निर्णयाचें समर्थन मागीर इंदिरा गांधीन खूब केलें पूण कोणाक तें खरें दिसलेंना. पक्षांत, सरकारांत आनी सरसकट लोकांमदीं

इंदिरा गांधीच्या ह्या हुकूमशाय पद्दतीचो निशेध जालो आनी कांय लोकांनी आपणालो संताप मेकळेपणीं उकतो केलो.

खुद्द प्रधानमंत्री इंदिरा गांधीच्या फुडारान कॉँग्रेसीचो उमेदवार संजीव रड्डी हाचो राष्ट्रपतीपदाचे वेंचणुकेंत पराभव जालो. हाचे परिणाम खूब गंभीर जाले आनी कॉँग्रेस पक्ष उबो फुटलो. मोरारजीभाई अर्थातूच इंदिरा - विरोधी पंगडांन म्हणल्यार 'सिंडिकेटींत' आसलो. इंदिरेच्या पंगडाक तेन्ना 'इंडिकेट' म्हणटाले. ताचोच मागीर कॉँग्रेस (इं) हो पक्ष जालो.

मोरारजीभाईचें कुटूंब

मोरारजीभाईचो बापूय रणछोडदास पयलींच्या भावनगर राज्यांत एक मास्तर आशिल्लो. मोरारजीभाईचें ल्हानपण चडशें ताच्या आजोळा भडेलींत गेलें. थंय ताचो आजो, आजी, दोन मामा आनी तांचीं कुटुंबां. तांचेकडल्यान मोरारजीक सदांच खूब माया आनी मोग मेळ्ळो. तांची थंय खूब अर्थ-अपुरबाय जाताली. तांच्या गुणांचो आनी वावराचो ताचेर बरोच प्रभाव पडलो.

मॅट्रिकेक आसतना बांयंत पडून मोरारजीभाईच्या बापायक मरण आयलें. तेउपरांत कांय दिसांनीच पयलीं थरिल्लेप्रमाण मोरारजीभाईचें लग्न जालें. बलसाडच्या बाई अवाबाई हायस्कुलांतल्यान मॅट्रिकेची परिक्षा पास जालेउपरांत मोरारजीभाई मुंबयच्या विल्सन कॉलेजांत 1913 ते 1917 अशीं चार वर्सां शिकलो. उपरांत ताणें माय 1918 त सरकारी नोकरी धरली. ही नोकरी ताणें 1930 त सोडली आनी ताणें स्वताक देशसेवेक ओंपलो.

मोरारजीभाईचें लग्न 1911 त जालें. पूण तो आनी ताची बायल

1917 मेरेन एकठांय उरलीं नात. कारण दोगांयची पिराय सामकी ल्हान आसली आनी मोरारजीभाईचें शिकप चालू आशिल्लें. देखून मोरारजीभाईचें काजारी जिवीत सुरू जालें तें तो बी ए पास जालेउपरांतूच. 1918 त तो नोकरेक लागलो तेन्ना ताचेबराबर अहमदाबादेंत ताची आवय, बायल, भाव आनी एक भयण इतलीं जाणां आशिल्लीं. ताच्या दोन भयणीं मदली एक 1912 त उजो लागून मेली. हो उजो तिका दिवाळेच्या वेळार फोग लायतना लागलो. तेन्नाच्यान मोरारजीभाईन घरांत कोणाकूच केन्ना फोग लावंक दिवंक ना.

1928 मेरेन मोरारजीभाईगेर पांच भुरगीं जालीं. तातूंतलीं चवगांत (दोग चले आनी दोगी चलयो) 1930 त ताणें नोकरी सोडली त्यावेळामेरेन ताचे म्हन्यांत रावतालीं. एकलो चलो ल्हान आसतनाच सोंपलो. नोकरी सोडीसर ताचीं सगलीं भुरगीं ताचेकडेन रावून ल्हानाचीं व्हड जालीं.

सगल्यांत व्हडलें चली विरू 1921 त जल्मलें. मोरारजीभाईचो पयलो चलो विरू फाटलो. पूण तो अठरा म्हयन्यांचो आसतनाच सोंपलो. दुसरी धूव 1925 त जल्मली आनी चलो कांतीलाल 1926 तलो. तिसरो चलो 1928 त जल्मलो आनी दोन तीन वर्साभितर सोंपलो. अशे तरेन 1930 च्या सुमाराक दोग चले आनी दोगी चलयो उरल्यो.

1930 त नोकरी सोडलेउपरांत रोखडेंच कांय दिसांनी मोरारजीभाईक बंदखणींत वचचें पडलें. ताची घरकान्नूय सत्याग्रही जावन बंदखणींत गेली. ताका लागून भुरग्यांच्या शिक्षणाचे हाल जाले. मोरारजीभाईन व्हडले चलयेक बडोद्यालागच्या इटोला चलयांच्या गुरुकुलांत घालें. दुसरी धूव मोरारजीचो धाकलो भाव अंबुभाईवांगडा रावली. कांतीलाल, मोरारजीचो भाव छोटूभाई हाचेवांगडा सिंधांत वचून शिकलो.

1930 ते 1934 ह्या काळांत मोरारजीभाई एकतर बांदखणींत आसतालो वा गुजरातेंत काँग्रेसीच्या कामाखातीर भोंवडेर आसतालो. 1934 त तो बंदखणींतल्यान सुटून आयलेउपरांत अहमदाबादेंत आपणालो धाकलो भाव, अंबेलाल हाचेसरीं रावपाक लागलो. थंय ताच्यो दोगीय धुवो म्युनिसिपल स्कुलांत शिकताल्यो आनी चलो दसरे एक शाळेंत. मागीर चलो गुजरांत विद्यापिठांत शिकूंक लाग्लो. स्कुलाचें निमाणें वर्स तो मोरारजीभाईचो इश्ट श्री. मंगलदास पक्वासा हाचेसरीं मुंबयंत रावलो आनी शिकलो.

1929 मेरेन मोरारजीभाई आपणाल्या भुरग्यांकडेन कठोर शिस्तीन वागतालो आनी तांकां केन्ना केन्ना रीत शिकोवपाखातीर मारतालोय बी. पूण 1921 त सावन ताका आपणें राग आळाबंदा दवरूंक जाय म्हणपाचें कळूंक लागिल्लें. पूण कोणाकडल्यानूय काम करून घेवंचें जाल्यार तापप आनी रागार जावप गरजेचेंशें दिसतालें आनी तिडक येवपाचे ताचे संवयेचेर नियंत्रण येनाशिल्लें. पूण 1929 त मात ताका खरसाणीन जाणवलें, भुरग्यांक सुदारपाखातीर तांकां मारफार करप समा न्हय. भुरगीं हीं तांच्या फाटल्या जल्माच्या प्रभावांतल्यान आपणाले वेगवेगळे सभाव घेवन जल्माक येतात आनी तेप्रमाण वागतात. ताका पुरायेन सुदारप कठिणूच आनी अशे कठोर तरेन तें निखालूस बरोबर न्हय. तेभायर तीं जाणट्यांविरूध्द प्रतिकारूय करूंक शकनात. हेंवूय अन्यायकारक. देखून 1929 त सावन उपरांत ताणें भुरग्यांच्या आंगाक केन्नाच मारपाखातीर हात लायलोना.

मुंबय सरकारांत 1937 त मोरारजीभाई मंत्री जालो तेन्ना ताचीं हेर सगलीं भुरगीं ताचेसरीं आशिल्लीं. चलो कांतीलाल बाई कवीबाई हाय स्कुलांत शिकतालो. मोरारजीभाई 1939 त मंत्रीमंडळ सोडून भायर

सरलो तो बद्द अहमदाबादेक वचून आपणालो धाकलो भाव अंबुभाई हाचे वांगडा रावूंक लागलो. त्या वेळार जायत्या वर्सांनी मोरारजी आनी ताचे तिगूय भाव एकठांय उरले. अंबुभाई एके मिलींत वेवस्थापक आसलो. नानुभाई लंडनाक सावन एफ आर सी एस ही वैजकी परिक्षा पास जावन आयिल्लो. सगल्यांत धाकलो छोटूभाई अहमदाबाद महापालिकेंत इंजिनियर म्हणून काम करतालो. थंयच्यान ताची सिंधांत बदली जाली.

1940-41 आनी 1942 त मोरारजीभाई परतोय बंदखणींत पावलो तेन्ना परतूय भुरग्यांच्या शिक्षणाची धांदल जावंक लागली. मंत्रीपद सोडचेपयलींच कांय दीस व्हडले धुवेची सोयरीक जाली. तिचें लग्न नवसारींत, मोरारजी बंदखणींतल्यान सुटलेउपरांत 1941 जालें. कोणाक आपोवंक नासतनाय खूब लोक आयले.

देवाचेर अढळ स्त्रध्दा

मोरारजीभाईची अजून देवाचेर अढळ स्त्रध्दा आसा आनी ताचेर आदारुनूच आजेवेर ताणें आपणालीं तत्वां थरयल्यांत आनी तीं आचरणांत हाडल्यांत. तांचे आवयबापूय आनी आजोळचीं मनशांय खूब देवभक्त आशिल्लीं. तीं निसुवार्थी आसलीं आनी सत्यवादी जावन वावुरतालीं. मोरराजीभाई पुनर्जल्म मानपी. आयचो ताचो सबाव आनी आचरण आनी ताचें व्यक्तिमत्त्व ताच्या फाटल्या जल्माची फुडली वाट अशें ताका दिसता.

कर्मसिध्दांताचेर मोरारजीभाईचो खर विस्वास आनी स्त्रध्दा. आमी

जें कितें बरें वायट करतात् आनी तागतात-भोगतात ताचो आमच्या कर्माकडेन थेट संबंद आसता असो ताचो पुराय विस्वास आनी भरवंसो. भगवद्गीता हो जाल्यार मोरारजीभाईचो सदांच आदार. तातूंतलीं कांय तत्वां ताचे आनी ताका जिवितांत जायत्या कठीण प्रसंगा वेळार धीर आनी पालव दिवपी थरल्यांत.

मोरारजीभाईविशीं लोकांचे जायते गैरसमज आशिल्ले आनी आजूय आसात. कांय अपसमज ताच्या दुस्मानांनी मुद्दम पातळायल्यात. देखीक ताचो हट्ट आनी आडमुठेपण. ताच्याच कांय इश्टांनी आसो प्रचार केलो की मोरारजीभाई आपणाक दिसता तेंच खरें मानता आनी दुसऱ्या कोणाचेंच कानामनार घेना. पूण मोरारजीभाईनूच ताच्या हट्टीपणाच्यो आनी कोणाचें आयकून ना घेतिल्ल्याच्यो देखी मागल्यार मात कोणूच दिवपाक फुडें येना हीय गजाल मतींत घेवपासारकी. पूण आजवेर मोरारजीभाईन दरेकाक फावो तो मान दिला, वेळ दिला आनी चर्चा केल्या.

हट्टीपण म्हळ्यार कितें ? मोरारजीभाईचे व्याख्येप्रमाण हट्टी मनीस आपणाक जें कितें खरें दिसत तें फट आसलें तरी खरेंच असो हट्ट घेवन रावता. हो एक दुर्गुणूच. मोरारजीभाई आपणाक हटवादी मानून घेवपाक तयार ना. कारण ज्या ज्या वेळार आपणालें चूकशें दिसलां तेन्ना आपणालें मत आनी धोरण बदलपाचें काम ताणें केलां अशें तो मानता. निर्भीडपण, निर्भयताय, निर्णय घेवपाची तांक, पुराय विचार करुनूच पावल घालप, नसत्या हांयसांचें भकीक पडप ना, निसुवार्थ, सत्यवाद अशो जायत्यो गजाली ताच्या व्यक्तिमत्वाचीं खाशेलपणां.

नवनिर्माण आंदोलन

गुजरातेंत विद्यार्थ्यांनी चिमणभाई पटेल सरकाराआड 1974 त 'नवनिर्माण आंदोलन' नांवाची चळवळ सुरू केली. हें एक विद्यार्थ्यांचें उत्स्फूर्त अशें आंदोलन आशिल्लें. खंयच्याच राजकी पक्षाचो तातूंत हात नासलो. पूण कॉंग्रेस पक्षांतल्याच एका गटाची ताका फूस आशिल्ली आनी तांकां चोरयां दुडू पावतालो. लोकांचो त्या विद्यार्थ्यांक भरपूर तेंको आसलो. तांणी गुजरातेंत एक नवनिर्माण समिती घडयली. ह्यो समित्यो मागीर वाडत वचून सबंद राज्यभर असल्यो 405 समित्यो तयार जाल्यो. सगल्यांचो उद्देश एकूच आसलो. कशेय भाशेन चिमणभाईचें सरकार उमथून उडोवप.

हें आंदोलन 1974 चे सुरवेक सुरू जाल्लें आनी तें रानांतल्या उज्यावरी हां हां म्हणटना सगल्याक पातळत गेलें. सगलीं कॉलेजां, शाळा, मुळाव्यो शाळा बी बंद पडल्यो आनी मास्तरांनी आनी प्रोफेसरांनी भुरग्यांचोच पाखो घेवन तांकां मनापासून तेंको दिलो. तांच्यो मागण्यो मान्य जायसर शिकोवप ना अशें तांणी थरयल्लें.

चिमणभाई सरकारान आंदोलन चिड्डून उडोवपाचो आटोकाट प्रयत्न केलो. सुरवातेक हें आंदोलन शांततायेन चलतालें. पूण मागीर सरकारान पोलिसांच्या आदारान आगळिको केल्यो. तातूंत ताका हिंसक मोडण मेळ्ळें. तातूंत 13 ते 15 वर्सां पिरायेचीं कांय भुरगीं मेलीं. मेल्ल्या विद्यार्थ्यांचो आंकडो सवायशांचेर पावलो. हातूंतले अर्दे चिमणभाईचे कारकिर्दींत जाल्यार उरिल्ले अर्दे उपरांतचे राष्ट्रपती राजवटींत सोंपले.

मोरारजीभाईन सबंद राज्याचो दौरो काडलो आनी सोंपिल्ल्यांच्या कुटुंबांचें सांत्वन केलें; हेरांक धीर दिलो. अखेरेक चिमणभाईक

राजिनामो दिवंचो पडलो. तरीय जावन लोकांचे मागणेक मान दिवन केंद्र सरकार विधानसभा विसर्जीत करपाक तयार नासलें. सुमार पंदरा दीस वाट पळोवन मोरारजीभाईन उपोशणाक बसपाचें थरयलें. 1974 चे मार्साचे 9 वेर मोरारजीभाईन कांय इश्टांचो सल्लो घेतलो.

इकरा मार्चाक मोरारजीभाई आमरण उपासाक बसलो आनी ताणें गुजरातच्या राज्यपाला वरवीं प्रधानमंत्री इंदिरा गांधीक रेकाद कळयलो. गुजरात विद्यापीठ गॅस्ट हाउसांत मोरारजीभाईन उपासाक सुरवात केली. अखेरेक 16 मार्चाक केंद्र सरकारान गुजरात विधानसभा बरखास्त केली.

1974 त बिहारांत विद्यार्थ्यांनी सरकाराआड आंदोलन सुरू केलें. तांणी ज्येश्ठ फुडारी जयप्रकाश नारायण हांचो सल्लो आनी आशिर्वाद घेतलो. जयप्रकाशजीन तांचें फुडारपण करपाचें मान्य केलें. ताणें दोन जनसंघर्श समित्यो घडयल्यो. एक विद्यार्थ्यांची आनी दुसरी राजकी कार्यकर्त्यांची. हें आंदोलन शांततायेन चललें. मोरारजीभाईन सुरवातेसावनूच जे पी च्या आंदोलनाक तेंको दिलो आनी उपरांत तातूंत वांटोय घेतलो. जेपीचें आंदोलन दिशींमाशीं हुंवार आयिल्लेवरीं बिहारभर पातळ्ळें. जेपीन अख्ख्या देसाची भोंवडी केली आनी बिहार आंदोलनाक तेंको मेळयलो.

चवथें उपोशण

मोरारजीभाईन गांधीजीचे सत्याग्रही पद्दतीन उपोशणां केलीं. 1956 त पयलेच फावट महा गुजरात आंदोलना वेळार हिंसक आंदोलनाचो निशेध म्हणून उपोशण केलें. दुसरें 1969 त अहमदाबादेंतल्या धर्मीक

दंगलींक लागून केलें. उपरांत मार्स 1974 त गुजरातच्या नवनिर्माण आंदोलनाच्या निमतान उपोशण जालें. हीं सगलीं उपोशणां गुजरातांत, अहमदाबादेंत केलीं. चवथें उपोशण मात केंद्र सरकाराआड दिल्लींत करपाचें मोरारजीभाईन थरयलें. ताचें कारण आशिल्लें भारतीय लोकशायेचो फुडार. ही गजाल 1974 तली.

मोरारजीभाईच्या उपोशणाक दिल्लींत आनी देसांत हेरकडेन बरो तेंको मेळ्ळो. जेपी, दादा धर्माधिकारी सारकिले लोक दिल्लींत ताका मेळून गेले. जायत्या जाणांनी ताका तेंको दिवपी एका दिसाचीं, दोन दिसांचीं आनी एका सप्तकाचीं उपोशणां केलीं.

भारतांत आणिबाणी

1975 त जूनाचे 12 तारखेर अलाहाबाद हाय कोर्टान इंदिरा गांधीची 1971 तली वेंचणूक अवैध थरयली आनी फुडाराक तिका स वर्सां वेंचणूक लडोवपाक बंदी घाली. आनीक दुसरो कोणूय लोकशाय मानपी प्रधानमंत्री आशिल्लो जाल्यार सोमतोच राजिनामो दिवन मेकळो जातलो आशिल्लो. तशें करपांत त्या पदाचो आनी ते व्यक्तीचोय मान आनी प्रतिशठा लोकांचे नदरेंत आनीक वाडटली आशिल्ली. पूण इंदिरा गांधी त्या वेळार तरी लोकशायवादी मातूय नासली अशेंच म्हणूंक जाय. तिणें सबंद देसभर 25 जून 1975 दिसा आणिबाणीचो कायदो लागू केलो.

दुसऱ्याच दिसा अंतर्गत सुरक्षा कायद्याखाला हेर जायत्या फुडाऱ्यांवांगडा मोरारजीभाईक अटक जाली. खबरांपत्रांचेर आनी हेर सगल्या लोकशाय संस्थांचेर बंदी वा नियंत्रण आयिल्लें. लोकांच्या मुळाव्या हक्कांचेर नियंत्रण आयलें. भिरांतेचें राज्य चालू जालें.

1976 च्या फेब्रेर म्हयन्यांत इंदिरा गांधीन सरकार आणिबाणी काडून उडोवपाचें आसा अशें जाहीर केलें. पूण अट घाली की हेखातीर विरोधी पक्षांनी शिस्त पाळची पडटली आनी सत्याग्रह बी आंदोलनां करूंक उपकरनात.

26 जूनाक मोरारजीभाईक अटक जाली तेन्ना ताका मातूय अजाप जालेंना. कारण तेन्नाची परिस्थिती आनी इंदिरा गांधीची वागपाची तरा सगल्यांक बेस बरी खबर आसली. इतले बेगीन पुलीस मात घराकडेन पावत अशें दिसूंक नासलें. पुलीस फांत्यार 2-30 क आयले. मोरारजीभाई न्हिदिल्लेकडेन आसलो. तांणी ताका उठयलोना. ते परतेय चारांक आयले. पांचांक पुलीस ताका घेवन गेले. घराभायर एक टॅक्सी आसली. तातूंत ताका बसोवन पुलीस घेवन गेले.

पुलीस मोरारजीभाईक घेवन 'साहोना टुरिस्ट सँटर' म्हणटात थंय गेले. संक सुमार ते थंय पावले. जयप्रकाश नारायण हांकांय थंयच हाडिल्ले. जेवणाविशीं विचारलें तेन्ना फकत 'दूद आनी फळां' इतलेंच मोरारजीभाईन सांगलें. त्या दिसासावन रांदिल्लें जेवण घेवप ना अशें मोरारजीभाईन थरयल्लें.

सुरवातेक ताचे कुडीक भायल्यान वा भितल्ल्यान खिळी वा कुलप नासतालें. दोन-तीन दिसां उपरांत भायल्यान कुलप लावंक लागले. मोरारजीभाईन पुलिसांक सांगलें, तुमी भायल्यान कुलप लायल्यार हांव भितल्ल्यान कुलप घालतलों, मागीर कुलप गेलें. मोरारजीभाईन वाचपाक वर्तमानपत्रां मागलीं पूण तीं दिवपाक सरकाराची परवानगी ना अशें सांगलें. आपणाक वाचपाक पेपर मेळ्ळेनात जाल्यार आपूण फाल्यांच्यान

जेवण घेवपाचें सोडटलों म्हणिनाबराबर पेपर मेळपाक लागले.

साहोना मोरारजीभाई एक म्हयनो आनी पांच दीस उरलो. उपरांत तावोरू म्हणटात थंय ताका व्हेलो. सगले मेळून 19 म्हयने मोरारजीभाई आणिबाणी बंदखणींत उरलो. ह्या काळांत आपणालो बंदखणींत फायदोच जालो आनी तेखातीर आपूण इंदिरेचे उपकार मानतां अशें मोरारजीभाईन आपणाले आत्मकथेंत बरोवन दवरलां. ह्या काळांत तो खूब अंतर्मूख जावन येवजूंक लागलो आनी हातूंत ईश्वराचेंय चिंतन आसपावतालें.

बंदखणींत आसतना मोरारजीभाईन तुलसीदासाचें रामायण चार-पांच फावटीं वाचलें.

भारताचो प्रधानमंत्री

1977 प्रधानमंत्री इंदिरा गांधीन आणिबाणी फाटीं घेतली आनी रोखडच्योच वेंचणुको जाल्यो. वेंचणुकांनी तिका आनी तिच्या पक्षाक व्हडली हार खावंची पडली. आणिबाणीवयलो राग लोकांनी असो उक्तायलो. जनता पक्ष सत्तेर आयलो. मोरारजीभाई 83 वर्साचे पिरायेचेर भारताचो प्रधानमंत्री जालो. पूण वेगवेगळे पक्ष एकठांय हाडून हो पक्ष घडयल्लो. व्हडले व्हडले, विंगड विंगड पक्षांतले फुडारी एकठांय जाल्ले. जगजीवनराम, चरण सिंग, राजनारायण हांचेसारकिले लोकूय तातूंत आशिल्ले. तांचे रोखडेच मतभेद सुरू जाले आनी जनता पार्टीचें सरकार कोसळळें. सुमार अडेजूच वर्सां मोरारजीभाई प्रधानमंत्रीपदार उरलो.

तेउपरांत राजकारणाक विदून मोरारजीभाईन राजकारणाचोच

संन्यास घेतलो. सक्रीय राजकारणांत रावप ना आनी हेफुडें वेंचणुकोय लडोवप ना असो ताणें निर्णय घेतलो आनी तो आजवेर ताणें पाळ्ळा. तो मतां उकतायता, सल्लो दिता पूण राजकारणापसून पयस मुंबयंत आपणाल्या जिविताचो काळ सारता. मार्स म्हयन्यांत ताका शंबरावें वर्स लागलां. 1990 त भारत सरकारान ताका भारतरत्न हो सर्वश्रेश्ठ भोवमान दिवन ताचो गौरव केलो. पाकिस्तान सरकारानूय त्या अदमासाक ताच्या जिविताच्या वावराक लागून ताका व्हडलो भोवमानाचो एक पुरस्कार भेटयल्लो.

मोरारजीभाईचें दीर्घ जिवीत म्हणल्यार संघर्श, निर्भींडटाय, कुशळ प्रशासन, कठोर निर्णय, हजरजबाबीपण, गांधीवादाचेर स्रध्दा, ईश्र्वर भक्ती आदी जायत्या जीवन मुल्यांची एक व्हडली जंत्री. मुत्सद्दीपणांत जाल्यार मोरारजीभाईचो कोणाच्यानूच हात धरूं नजो. नितळ चारित्र्य आनी सत्याची कास धरप हो ताच्या जिविताचो स्थायीभाव. मोरारजीभाई 10 आब्रील '95 ह्या दिसा हो संवसार सोडून गेलो.

भारतरत्न मोरारजीभाईच्या जिवितांतल्यो म्हत्वाच्यो घडणुको

1896 - गुजरातेंत भडेली गांवांत जल्म.

1901 - मुळाव्या शिक्षणाक सुरवात.

1905 - बंगालचे फाळणेच्या निमतान राष्ट्रीय आंदोलन. मोरारजीभाई च्या सोडटा. त्याच वर्सा पयलेच फावट अहमदाबादेंत पावल.

1912 - मॅट्रिकेची परिक्षा पास जालो.
त्या वर्सा गजराबेनीलागीं लग्न.
त्याच वर्सा बापायचें मरण.

1913- कॉलेज शिक्षणाखातीर मुंबयंत पावल. विल्सन कॉलेजींत प्रवेश.

1917- बी ए पास जालो. सोमतोच सरकारी नोकरेंत रुजू. अहमदाबादेंत नेमणूक.

1920- अहमदाबादसावन ठाण्याक बदली.

1924- पंचमहालाक बदली.

1929- जिल्ल्याधिकाऱ्याचो अहमदाबादेंत निजी सचीव जालो.

1930- गांधीजींचे दांडी यात्रेंत सहभाग. सरकारी नोकरी सोडली. देससेवेक सुरवात.

1932- अटक आनी बंदखण.

1931-37-गुजरात काँग्रेसीचो सचीव.

1952- मुंबय राज्याचो मुख्यमंत्री जालो.

1953-54- मुंबयंत बरींचशीं सुदारणेचीं कामां चालीक लायलीं. दादरा-नगर हवेली मुक्त केली. संयुक्त महाराष्ट्राच्या आंदोलनाक धिटायेन फुडो केलो.

1956- नेहरूच्या आपोवण्या वयल्यान केंद्रीय मंत्रिमंडळांत सहभाग. सुरवातेक वेपार आनी उद्देग खातें.

1958- पयलीच विदेश भोंवडी. मुखेलपणान इंग्लंडाची यात्रा.

1959- युरोप, अमेरिका आनी जपानाक भेट.

1961- आफ्रो-आशियाई असोसिएशना- मुखार मार्गदर्शन.

1962- अमेरिका भेटेंत भारताचे गोंय कारवायेचें मनाआड समर्थन.

1964- जवाहरलाल नेहरूक मरण. प्रधानमंत्री जावपाची संद गेली.

1966- शास्त्रीजीचें मरण. प्रधानमंत्री जावपाची दुसरीय संद गेली. इंदिरा गांधीचें जैत. मोरारजीभाई उपप्रधानमंत्री आनी अर्थ मंत्री.

1969- काँग्रेस पक्ष इंदिरा गांधीक लागून फुटलो. मोरारजी काँ. (ओ) पक्षांत, सरकाराच्या विरोधांत

1974- गुजरातांत नवनिर्माण आंदोलन. उपास येसस्वी.

1974- बिहारच्या जनसंघर्श आंदोलनांत सहभाग. दिल्लींत उपास येसस्वी.

1975- आणिबाणी आनी 19 म्हयन्यांची बंदखण.

1977- भारताचो प्रधानमंत्री.

1980- जनता पार्टी सरकार कोसळ्ळें. राजकारण संन्यास.

1990- 'भारत रत्न' हो भोवमान दिवन भारत सरकारा वतीन गौरव.

हीं भुरगीं
पांखरां कशीं
आनंद पिशीं
शब्दवनांत
राजहंस
राजहंस वितरण
बऱ्या पुस्तकांची पंगत ! धरा आमची संगत !!